Panaji National 17th March 2025 8.40am

**भारत तटस्थ नासून शांततेखातीर कटिबद्ध आसा अशे  प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हळां.**

**प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज नवी दिल्लींत रायसीना डायलॉग 2025 च्या धाव्या आवृत्तीचें उक्तावण करतले.**

**प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत न्यूझीलंडाचे प्रधानमंत्री क्रिस्टोफर लक्सन हांचे बरोबर  भारत-न्यूझीलंड संबंदांच्या वेगवेगळ्या पैलू  विशीं चर्चा करतले.**

**सरकार आयज प्रधानमंत्री इंटर्नशिप येवजण (PMIS) खातीर समर्पीत अॅप सुरू करतले.**

**कबड्डी सवसारीक करड 2025 आयज सांजवेळा इंग्लंडांत सुरू जाता. भारतीय दादल्यांचो पंगड इटली आड  आपली मोहीम सुरू करतलो.**

**PM RAISINA DIALOGUE - 140**

**प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज नवी दिल्लींत रायसीना डायलॉग 2025 च्या धाव्या आवृत्तीचें उक्तावण करतले. न्यूझीलंडाचे प्रधानमंत्री क्रिस्टोफर लक्सन मुखेल सोयरे म्हूण उक्तावण अधिवेशनांत हाजीर रावून बीज भाशण दितले. तीन दिसांची रायसीना डायलॉग कार्यावळ आयच्यान 19 मार्च मेरेन चलतली.**

**ह्या वर्साच्या कार्यावळीचो विशय आसा 'कालचक्र - लोक, शांती आणि पृथ्वी'. ह्या कार्यावळी वेळार संवसारांतले धोरण निर्माते आनी विचारवंत स मुखेल विशयांचेर विचारमंथन करतले. तातूंत Politics Interrupted: Shifting Sands and Rising Tides; Resolving the Green Trilemma: Who, Where, and How, and Digital Planet: Agents, Agencies and Absences. हांचो आस्पाव जाता.**

रायसीना डायलॉगच्या धाव्या आवृत्तींत सुमार 125 देशांतले प्रतिनिधी वांटो घेतले. कार्यक्रमात तीन हजार ५०० मायज सहभागी वैयक्तिकरित्या संवाद साधतले. ताची पुराय कार्यवाही संवसारभरांतले कोट्यानी लोका वेगवेगळ्या डिजिटल प्लॅटफॉर्मां वरवीं पळयतले.

रायसीना डायलॉग ही भारताची भूराजनीती आनी भू-अर्थशास्त्राचेर मुखेल कार्यावळ आसून संवसारीक समाजाक मुखार आशिल्ल्या सध्याच्या आव्हानांक तोंड दिवपाच्या मार्गांचेर विचार मंथन करता.

PM podcast – 150

भारत तटस्थ नासून शांततेखातीर कटिबद्ध आसा हाजेर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी भर दिला. तांणी म्हणलें, भारत शांतताये विशीं कितेंय सांगता, तें संवसार आयकता, कारण भारत ही गौतम बुध्द आनी महात्मा गांधी हांची भूंय. पॉडकास्टर लेक्स फ्रीडमेन हांचे कडेन केल्ल्या संवादांत मोदी हांणी सांगलें, भारतीय लोक सौहार्दाचेर विस्वास दवरतात आनी शांतताय जाय.

पाकिस्तानाचेर विचारिल्ल्या एका प्रस्नाक जाप दितना प्रधानमंत्री मोदी हांणी पाकिस्तानाक संवसारीक अस्थिरतायेचें केंद्र अशें म्हणलें. फाळणी उपरांत पाकिस्तानान सुसंवादात्मक सहअस्तित्वाची निवड करूंक ना. पाकिस्तानान भारता आड प्रॉक्सी झूज निवडलां. भारतान पाकिस्तानाक सरकार पोषित आतंकवादाचो मार्ग सोडपाचे सतत आवाहन केलां हाजेर तांणी भर दिलो.

रशिया-युक्रेन संघर्शा विशीं मोदी हांणी सांगलें, जेन्ना दोनूय देश एकठांय येवन उलोवणी करतले तेन्नाच ताजेर कितें तोडगो मेळटलो. युक्रेन आपल्या इश्ट देशां कडेन अगणित चर्चा करपाक शकता, पूण ताचो कसलोच परिणाम जावचो ना अशें तांणी सांगलें. चर्चांत दोनूय पक्षांचो आस्पाव करचो पडटलो अशें तांणी सांगलें. सध्याची परिस्थिती रशिया आनी युक्रेन हांचे मदीं अर्थपूर्ण संवादाची संद दिता अशें तांणी सांगलें.

NEW ZEALAND PM VISIT - 70

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत न्यूझीलंडाचे प्रधानमंत्री क्रिस्टोफर लक्सन हांचे बरोबर भारत-न्यूझीलंड संबंदांच्या वेगवेगळ्या पैलू विशीं चर्चा करतले. लक्सन आयज दनपारां राष्ट्रपती भवनांत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांची भेट घेतले.

प्रधानमंत्री लक्सन मुंबयक भेट दितले आनी थंय ते वेवसायीक फुडाऱ्यां कडेन संवाद सादतले. लक्सन काल पांच दिसांच्या भारत भेटीर नवी दिल्लीत पावले. ताचे बरोबर मंत्री, वरिश्ठ अधिकारी, वेवसाय, मीडिया आनी भारतीय प्रवासी समुदायतले वांगडी अशे उंचेल्या पांवड्यावेले शिश्टमंडळ आसा.

DOVAL-GABBARD - 70

राश्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार अजीत डोवाल हांणी काल नवी दिल्लींत अमेरिकेच्यो राष्ट्रीय गुप्तचर संचालक तुलसी गॅबर्ड हांचे बरोबर बसका घेतली. सूत्रांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण भारत-अमेरिका संबंदांच्या वेगवेगळ्या पैलू विशीं तुलसी गॅबर्ड हांणी डोवाल हांचे बरोबर सविस्तर चर्चा केल्ली. तुलसी गॅबर्ड आपल्या बहुराष्ट्रीय भोंवडेचो एक भाग म्हूण भारतांत आयल्या. तांच्या आशिया भोंवडेचो समारोप मंगळरा दिल्लीत सुरक्षा अधिकाऱ्यांच्या बहुराष्ट्रीय सभा रायसिना डायलॉगात तांच्या भाषणान जातलो. रायसीना डायलॉग खातीर तांकां प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आमंत्रित केल्ल्यो.

PMIS - 70

अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन आयज प्रधानमंत्री इंटर्नशिप येवजण (PMIS) खातीर समर्पीत ॲप सुरू करपाची आसा. येवजणेच्या दुसऱ्या फेरये खातीर सोपी नोंदणी सुविधा दिवन सहभाग वाडोवप हो हे ॲपचो हेत आसा. हाचे खातीर अर्ज 31 मार्च मेरेन मान्य जातले. अर्जदारांक मोबायल फोनांतल्यान ॲपाचो फायदो घेवंक मेळटलो. या ॲपच्या लाँच बरोबरच, कोलकातात प्रधानमंत्री इंटर्नशिप येवजणे खातीर सुविधा केंद्र स्थापन करतले. केंद्र हो कॉर्पोरेट वेव्हार मंत्रालय आनी भारतीय उद्देग संघटने मदलो सहकार्याचो यत्न.

MANDAVIYA- FIT INDIA - 85

खेळाक संस्कृती आनी जीवनशैलीचो अविभाज्य भाग करपाचो सरकाराचो हेत आसा अशें केंद्रीय युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्री मनसुख मांडवीय हांणी सांगलां. काल नवी दिल्लींत जाल्ल्या फिट इंडिया कार्निवालाच्या उक्तावण अधिवेशनांत उलयतना तांणी म्हणलें, भलायकेन भरिल्लो समाज देशाक विकसीत भारत जावपाचे दिकेन मुखार व्हरता. कार्निवालांतल्या योग, एरोबिक्स, झुम्बा ह्या सारक्या उपक्रमांक लागून लोकांक फिटनेस विशीं सकारात्मक संदेश मेळटलो असो उल्लेख तांणी केलो.

मांडविया हाणी फिट इंडिया सायकल उपक्रमाच्या फायद्यांविशी पुस्तिकेचे प्रकाशनूय केले. ह्या वेळार अभिनेतो आयुष्मान खुराना, कुस्तीपटू संग्राम सिंग आनी हेर जायते खेळगडे हाजीर आशिल्ले.

India New Zealand FTA – 100

भारत आनी न्यूझीलंड हांणी व्यापक आनी परस्पर फायद्याची मुक्त वेपार करार करपा खातीर वाटाघाटी सुरू करपाची घोशणा केल्या. काल केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल आनी न्यूझीलंडचो वेपार आनी गुंतवणूक मंत्री टॉड मॅकले हांचे मदीं नवी दिल्लींत जाल्ले बसकेंत ताची सुरवात जाली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत गोयल हाणी सांगलें की, द्विपक्षीय भागीदारींत हो एक म्हत्वाचो वाटचिरो थारता, जो दोनूय देशां मदीं वेपारी संबंद खोलायेन वाडोवपाची आनी आर्थिक संधींचा विस्तार करपाच्या सामायिक दृष्टीकोन प्रतिबिंबित करता. द्विपक्षीय वेपार स्थिरपणान वाडत आसा आनी एप्रिल 2024 ते जानेवारी 2025 ह्या काळांत एक अब्ज अमेरिकन डॉलर वयर गेला अशें तांणी सांगलें.

BIS – 95

अमेझॉन, फ्लिपकार्ट आणि बिगबास्केट यांसारख्या प्रमुख ई-कॉमर्स प्लॅटफॉर्मचेर गैर-अनुपालक उत्पादनांच्या विक्रीचेर भारतीय मानक ब्युरोन केलल्या कठोर कारवाईचे स्वागत ऑल इंडिया ट्रेडर्स कॉन्फेडरेशनचे राष्ट्रीय महासचिव आणि चांदनी चौकातले खासदार प्रवीण खंडेलवाल हाणी केला.

खंडेलवाल हांणी भारतीय मानक ब्युरोन हांणी केल्ली ही अंमलबजावणी कृती एक सकारात्मक पावल अशें म्हणलें आनी भारतीय कायद्यांचें पालन करपाची खात्री करपा खातीर ई-कॉमर्स कंपनींक संदेश दितले अशें सांगलें. ह्या परकी भांडवल वरवीं चालीक लायिल्ल्या ई-कॉमर्स कंपनींनी परत परत भारतीय कायद्याचें उल्लंघन केल्ल्याचो आरोप तांणी केला आनी हें फकत गिरायकां खातीर धोक्याचे न्हय तर देशभरांतल्या ल्हान वेपाऱ्यां खातीरय हानीकारक आसा अशें तांणी सांगलें.

मास्टर्स लीग फायनल - ७०

सचिन तेंडुलकरच्या फुडारपणाखाला इंडिया मास्टर्स पंगडान काल राती रायपूरातल्या शहीद वीर नारायण सिंग आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमात जाल्ल्या निमण्या खेळात ब्रायन लाराच्या वेस्ट इंडिज मास्टर्स पंगडाक ६ गड्यानी हारोवन पयल्या आंतरराष्ट्रीय मास्टर्स लीग टी२० क्रिकेट सर्तीचे वस्तादपण मेळयले. पयली फलंदाजी करताना, वेस्ट इंडिज मास्टर्स पंगडाक निर्धारीत २० शटकात ७ बाद १४८ धावंड्योच करप शक्य जाले. उपरांत वेस्ट इंडिज मास्टर्स पंगडान दिल्ले मोख इंडिया मास्टर्स पंगडान फकत १७.१ षटकात हुंपले. अंबाती रायुडून बेसबरो खेळ करताना ७४ धावंड्यो केल्यो.

Delhi Pollution – 95

राजधानींतल्या वायु प्रदुशणाचो प्रस्नाक तोंड दिवपा खातीर आनी पर्यावरण सुदारपा खातीर दिल्ली सरकारान व्हड प्रमाणांत मोहीम सुरू केल्या. मुख्यमंत्री रेखा गुप्ता हांच्या फुडारपणाखाल हे दिकेन जायतीं म्हत्वाचीं पावलां उबारपाक लागल्यात. दिल्ली नितळ आनी प्रदुशण मुक्त करपा खातीर सरकारान ठोस आनी प्रभावी उपाय सुरू केल्यात अशें मुख्यमंत्री रेखा गुप्ता हाणी सांगलें.

ह्या उपायांत रिंग रोड धुल्ल मुक्त करप, रस्त्या कुशीक ग्रीन बेल्ट तयार करप, वाहतूक कोंडी उणी करपाच्यो येवजण्यो आनी भौशीक येरादारी सुदारपा खातीर पावलां उबारप हांचो आस्पाव जाता.

वायु प्रदुशण नियंत्रीत करपा खातीर सरकारान शास्त्रीय आनी टिकावू उपायांचेर भर दिला अशें मुख्यमंत्र्यांनी स्पश्ट केलें.